# **राश्ट्रीय खबरो**

## **९ जानेवारी २०२५ सांजेची ६.३० वरां.**

**प्रधानमंत्री प्रवासी अधिवेशन** १७०

2047 मेरेन देशाक विकसीत राश्ट्र करपा खातीर भारतीय प्रवासी लोकांची म्हत्वाची भुमिका आसतली अशें प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी आयज म्हळां.
ओडिशाच्या भुवनेश्वरांत जाल्ल्या अठराव्या प्रवासी भारतीय दिवस अधिवेशनाचें उक्तावण केल्या उपरांत ते लोकांक मार्गदर्शन करतना उलयताले. प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हाणी भारतीय प्रवासी लोकांनी संवसारीक उदरगतींतल्यान भारताच्या उदरगती खातीर केल्ल्या म्हत्वाच्या भुमिकेची तोखणाय केली. भारतीय प्रवाशानी संवसारभर बेस बरें काम केला आनी तांच्या कामाचो देशाक अभिमान दिसता अशे प्रधानमंत्र्यानीं मुखार सांगले. भारतीय प्रवासी लोकांक संवसारीक मळार व्हड मान मेळोवपान भारतीय मुल्यांची आनी संस्कारांची भुमिका कशी म्हत्वाची थारता हाचेर प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी उजवाड घातलो.

फाटल्या धा वर्सांत आपुण जायत्या संवसारीक मळावेल्या फुडाऱ्यांक मेळ्ळो, आनी त्या सगळ्या फुडाऱ्यानी भारतीय प्रवाशांच्या संस्कारांची ,गुणांची आनी विचारांची तोखणाय केली अशे प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हाणी मुखार सांगले.

हाचें एक मुखेल कारण म्हणल्यार समाजीक मुल्यां, भारतीय प्रवासी संवसारांतल्या समाजांत रुजयतात अशे ताणी म्हळे. भारत ही फकत ‘लोकशायेची आवय’ न्हय, तर, लोकशाय ही आमच्या भारतीयांच्या जिणेचोच एक भाग आसा.

लोकशाय ही भारतीयांच्या जीणेचीच एक पद्धत जावन आसा, अशा तरेंन ती आमच्या जिणे पद्दतींत रुजल्या." अशे प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हाणी उलयताना मुखार सांगले.

**द्रौपदी मुर्मू ४०**

राश्ट्रपती द्रौपदी मुर्मु आयजसावन मेघालय आनी ओडिशाचे भेटेर आसात. मेघालयांतल्या उमियमांत आयसीएआर संशोधन संकुलाच्या भांगरा महोत्सवी सुवाळ्यांत आयज त्यो हाजीर रावपाच्यो आसात. फाल्यां राश्ट्रपती मुर्मू भुवनेश्वरांत प्रवासी भारतीय दिवस अधिवेशनाच्या समारोप सत्राक हाजीर रावतली आनी प्रवासी भारतीय सन्मान पुरस्कार भेटयतल्यो.

**नितीन गडकरी ९०**

भारताक उर्जा आयात करपी देशांतल्यान उर्जा निर्यात करपी देशांत रुपांतरीत करपाचो सरकाराचो हेत आसा अशें केंद्रीय रस्तो येरादारी आनी म्हामार्ग मंत्री नितीन गडकरी हांणी सांगलां.

भारत पर्यायी उर्जा स्त्रोतांचो सेगीत प्रचार करता अशें मध्य प्रदेशांतल्या पिथमपूराच्या नॅशनल ऑटोमोटिव्ह टेस्ट ट्रॅकांत आयोजीत केल्ल्या कार्यावळींत उलयतना केंद्रीय मंत्री गडकरी हांणी सांगलें.

गडकरी हांणी हायड्रोजन हें फुडाराचें इंधन अशें वर्णन करून सरकार आनी जायत्यो ऑटोमोबायल कंपनी हे दिकेन वावुरतात अशें सांगलें. देशाच्या अर्थीक वाडींत मोटार उद्देगाचें म्हत्व तांणी उक्तायलें. ह्या मळार आतां मेरेन 4 कोटी 50 लाखां परस चड नोकऱ्यो निर्माण जाल्यात अशें गडकरी हांणी सांगलें.

**प्रजासत्ताक परेड १०५**

अंदू प्रजासत्ताक दिसाची परेड पळोवपाक सुमार धा हजार खाशेल्या सोयऱ्यांक आमंत्रीत केल्यात. ह्या खाशेल्या सोयऱ्यां मदीं सरपंच, आपत्ती मजत कामगार, उत्कृष्ट कामगिरी केल्ले वॉटर वॉरियर्स, हँडलूम आनी हस्तकला कारागीर, मन की बात कार्यावळीं वांटेकार जाल्ल्यांक, माय भारत आप वावुरपी, ईशान्य राज्यांतले सोयरे, आनी उत्कृष्ट स्टार्ट-अप हांचो आस्पाव आसा.

कांय आमंत्रीत सोयरे आप वावुरपी गटांच्या माध्यमांतल्यान उत्पन्न आनी रोजगार निर्मीती खातीर तोखणाय करपा सारकें काम करतात अशें संरक्षण मंत्रालयान सांगलां.

हे सोयरे राश्ट्रीय झुंजा स्मारक, प्रधानमंत्री संग्रहालय आनी दिल्लीच्या हेर मुखेल थळांक भेट दितले.

**छत्तीसगड ७०**

छत्तीसगडांत आयज सुकमा जिल्हयांत सुरक्षा दळ आनी माओवाद्यां मदीं चकमक जाली. सुकमा आनी बीजापूर जिल्हयांच्या शिमेवेल्या रानांत सुरक्षा दळाचो जोड पंगड नक्सल विरोधी कारवाय करपाक भायर सरलो तेन्ना ही चकमक सुरू जाली अशी म्हायती आमच्या खबराकारान दिल्या.

सूत्रांनी दिल्ले म्हायती प्रमाण ह्या चकमकींत तीन माओवाद्यांक मरण आयलां. जिल्लो राखीव दळ, खाशेलें कार्य दळ आनी कोबरा दळाच्या जवानांचो हे कारवायेंत आसपाव आशिल्लो. निमाणी खबर मेळ्ळी तेन्ना ही चकमक सुरूच आशिल्ली.

**हवामान ८५**

भारतीय हवामान खात्यान फाल्यां जम्मू-काश्मीर आनी लद्दाखांतल्या कांय सुवातींनीं शियांच्या ल्हारांचो अदमास उक्तायला. हरयाणा, चंडीगढ, दिल्ली, आनी देशाच्या ईशान्येच्या राज्यांतल्या कांय वाठारांनी फुडल्या 2 दिसांत दाट धुकें पडपाची शक्यताय आसा. आकाशवणी खबराकारा कडेन उलयतना हवामान विभागाचे वरिश्ठ शास्त्रज्ञ डॉ. सोमा सेन रॉय हांणी ह्या म्हयन्याच्या 11 तारखेक पुराय वायव्य वाठारांत पावसा सयत गडगड मारपाची शक्यताय आसा अशी म्हायती दिल्या.

-----------